**शीम वांठारांत सोरो विक्री बंद**

ता. 8 डिसेंबर 2021

बेळगांवच्या थळाव्या प्राधिकरण मतदारसंघ वेंचणूकीच्या फाटभूंयेर काणकोण म्हालातलो पोळे गांव, धारबांदोडा म्हालातलो मोले गांव आनी सत्तरी म्हालातल्या सुर्ला गांवच्या वांठारांतली सगळीं परवानाधारक सोरो विक्री दुकानां आनी आस्थापनां ता. 8 डिसेंबर दिसा सांजेची 4.00 ते ता. 10 डिसेंबर 2021 च्या मध्यानराती मेरेन बंद दवरपाचो सरकारान आदेश दिला. गोंय राज्यांतले वयले वांठार कर्नाटक शीमेसावन 5 कि. मी. अंतराभितर येतात.

बार आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले, पुण बार काऊंटर बंद आसतले आनी सोरो विक्री बंद आशिल्ल्याचो बोर्ड लावचो पडटलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1026

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji